**मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं सांखळें सरकारी मुळाव्या शाळेची पायाभरणी**

ता. 6 एप्रिल 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज सांखळें हांगाच्या हाऊसिंग बोर्ड कॉलनीत नियोजीत सरकारी मुळाव्या शाळेच्या इमारत बांदकामाचो बुन्यादी फातर बसयलो.

बुन्यादी फातर बसयल्या उपरांत उलयताना मुख्यमंत्र्यान तरणाटे हे आपल्या देशाचे भविश्य आशिल्ल्याचे सांगून तरणाट्यांक सुसंस्कृत शिक्षण दिवपाक सरकारचे प्राधान्य आशिल्ल्याचो पुर्नरुच्चार केलो.

ह्या वेळार सांखळी नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. यशवंत माडकर, हेर नगरसेवक आनी गोंय राज्य पायाभूत सुविधा विकास महामंडळाचे अधिकारी उपस्थित आशिल्ले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, राज्यांतल्या सरकारी शाळांतल्या विद्यार्थ्यांच्यो गरजो भागोवपाखातीर सरकार शाळांची योग्य देखभाल करपाखातीर प्रयत्न करता.

पर्वरी हांगाच्या हाऊसिंग बोर्ड कॉलनीत गुढी पाडव्याच्या दिसा नियोजीत साई नर्सिंग स्कूलाची पायाभरणी करपात येतली, अशींय म्हायती मुख्यमंत्र्यानी ह्या वेळार दिली.

सांखळेंच्या मुळाव्या शाळेच्या इमारतीत स्टेट ऑफ आर्ट सुविधा आसतल्यो जातूंत वरांड्यासयत चार वर्ग, प्राचार्यखातीर कॅबिन, स्टाफ रूम, स्टोअररूम, स्पोर्ट्स रूम आनी शिक्षक, चलयों आनी चल्यांखातीर शौचालय आसतले. इमारतीचे बांदकाम 372.36 चौ. मी. आसतले आनी सुमार 99.63 लाख रूपया खर्च येतलो.

सुरवातीक श्रीमती शुभदा सावईकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/377

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji